# <u>महसूलमंत्र्यान दिवचलच्या लोकांच्यो समस्या जाणून घेतल्यो</u>

ता. 10 ऑक्टोबर 2017
19 कार्तिक 1939

महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी काल दिवचल तालूक्यातल्या पंचायतीत आनी उपजिल्होधिकारी कार्यालयात भेट दिवन लोकांच्यो समस्यां जाणून घेतल्यो. श्री. खंवटे हांणी दिवचल तालूक्यातल्या लाटंबार्से, मेणकूरे आनी साळ पंचायतीतले नागरीक, सरपंच आनी पंचाकडल्यान प्रशासकीय सेवा आनी लोकांच्यो हेर समस्यां आयकून घेतल्यो आनी लोकांक बरी प्रशासकीय सेवा दिवपाखातीर संबंधित अधिकाऱ्याक योग्य पावला उबारपाक सांगले.

लाटंबार्से गांवच्या लोकांनी प्रत्येक म्हयन्याच्या पयल्या शुक्राराक एक वरांखातीर उपजिल्होधिकारी आनी मामलेदारान लाटंबार्से पंचायत कार्यालयात भेट दिवपाची मागणी केली. महसूलमंत्र्यान उपजिल्हाधिकारी आनी मामलेदाराक तालूक्यातल्या सगळ्या पंचायतीनी अशी भेट दिवन लोकांच्यो अडचणी सोडोवपाचो आदेश दिलो.

प्रशासन भ्रश्टाचारमूक्त करून लोकांक बरी सेवा दिवपाचेर सरकारान भर दिल्ल्याचे महसूलमंत्र्यान सांगले. सरकारी येवजणो लोकांच्या दारामेरेन पावोवन लोकांक अशा येवजणांचो फायदो घेवपाक मदत करतात, अशेंय तांणी सांगले.

आमदार श्री. राजेश पाटणेकर, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती निला मोहनन, महसूल खात्याचे जोड सचीव श्री. आंतोनियो फर्नांडिस, उपजिल्होधिकारी श्री. हरिश अडकोणकर, मामलेदार श्री. मधू नार्वेकर, जिल्हो पंचायत वांगडी श्री. शरद शेट्ये आनी हेर अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.